01.05.2025 7.20 pm

- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज मुंबयत पयल्या जागतिक ऑडिओ व्हिज्युअल एंटरटेनमेंट समिट (वेव्हज) २०२५ चे उकतावण केले
- जातीय जनगणना करपाच्या केंद्र सरकाराच्या निर्णयाक मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी येवकार दिला
- गोंय कामगार आयोगावरवी कामगार दिसा निमतान आयोजित कार्यावलित मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाणी श्रम गौरव पुरस्कार भेटयले
- गोयची नामनेची शिरगावची श्री लाइराई देवीची जात्रा फालया सावन सुरू जाता

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज मुंबयत जिओ वर्ल्ड कन्व्हेन्शन सेंटरात पयल्या जागतिक ऑडिओ व्हिज्युअल एंटरटेनमेंट समिट (वेव्हज) २०२५ चे उकतावण केले. या वेळार उलयताना मोदी हाणी म्हणले की, वर्ल्ड ऑडिओ व्हिज्युअल अँड एंटरटेनमेंट समिट (वेव्हज) हे संक्षिप्त रूप ना, तर ते संस्कृती, सर्जनशीलता आणि वैश्विक संबंधांची लाट आसा. ही एक जागतिक माची जे कलाकार आणि निर्मात्यांच्या नवीन कल्पनांक उर्बा दितली अशे ताणी म्हळे. आमी ऑरेंज अर्थव्यवस्थेच्या वाढीच्या युगाचे साक्षीदार आसात. ऑरेंज अर्थव्यवस्थेचे तीन स्तंभ म्हणजे आशय, सर्जनशीलता आणि संस्कृती. भारत संगीत, चित्रपट आणि गेमिंगचे जागतिक केंद्र जायत आसा. ऑरेंज अर्थव्यवस्थेच्या भरभराटीसयत, भारताचो ग्राफिक आणि एनिमेशन उद्योग प्रचंड वाडीक मुखार सरतलो आणि देशा खातीर आर्थिक समृद्धी हाडटलो अशे प्रधानमंत्री उलयले

वेव्हज बाजार उपक्रमाचे कौतुक करताना ताणी म्हणले की ते नवोन्मेषक आणि निर्मात्यांक उर्बा दितले.देश तिसऱ्या क्रमांकाची अर्थव्यवस्था जावपाच्या दिशेन प्रयत्नशील आसा आणि जगातल्या तिसऱ्या क्रमांकाची सगळ्यात व्हड स्टार्टअप इकोसिस्टम आसा अशे सांगुन ताणी म्हणले की, विकसित भारताकडे प्रवास आताच सुरू जाला.

जातीय जनगणना करपाच्या केंद्र सरकाराच्या निर्णयाक मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी येवकार दिला . ह्या निर्णयाक लागुन सामाजिक तशेंच अर्थिक सुधारणा जातली अशी प्रतिक्रिया तांणी दिल्या.गोंयांतुय जातीय जनगणना जावची अशी फाटल्या साबार वर्सां सावन मागणी आशिल्ली, आता ही मागणी पुराय जाल्या. जातीय जनगणना करपाचो निर्णय हो देशातल्या बऱ्याचश्या नागरीकांखातीर

महत्वाचो थारतलो असो विस्वास मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.

जाती प्रमाण जनगणना करपाच्या निर्णयाचो समाजीक आनी अर्थीक सुधारणा राबोवपा खातीर व्हडा प्रमाणांत प्रमाणांत लाव जातलो. जाती प्रमाण जनगणना करपाचो केंद्रीय मंत्रिमंडळाचा निर्णय इतिहासीक स्वरूपाचो आसा अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणलें. जातनिहाय जनगणना करपाचो निर्णय ह्यान पयलीं खंयच्याच सरकारान घेवंक ना, अशें सांगतनाच मुखेलमंत्र्यांनी ह्या निर्णयाक येवकार दिलो. केंद्रीय मंत्रिमंडळान बुधवारा जातनिहाय जनगणनेक मान्यताय दिली. गोंयांत भंडारी समाजाच्या फुडाऱ्यांनी जातनिहाय जनगणना करपाची मागणी केल्ली. ह्या निर्णयाक लागून भंडारी समाजाची मागणी मान्य जाल्या.

गोंयांत खासगी कंपन्यांनी, तशेंच बांधकाम आनी खासगी क्षेत्रात काम करपी कामगाराचेंर अन्याय जाता आसात वा तांका तांच्या कामगार हक्कापासत वंचित दवरले जाल्यार सरकारा अशा व्यवस्थापनाचेंर, वा कंत्राटदाराचेर कडक कारवाय करतलो अशी शिटकावणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या,बांधकाम क्षेत्रातल्या कामगारांची ई- श्रम कार्डावरवी नोंदणी करप सक्तीचे आसा अशे मुखएलमंत्र्यान म्हणला.

गोंयचे जे नागरीक खासगी आस्थापनांनी काम करता ताका कामगार कल्याण मंडळावरवी घर बांधपाक, तांच्य भुरग्यांक शिष्यवृत्ती दिवपाक, तशेंच लग्न जावपा खातीर सरकार अर्थिक मजत करतलो अशीय घोशणा ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केला. ते गोंय कामगार आयोगावरवी कामगार दिसा निमतान आयोजित केल्या श्रम गौरव पुरस्कार दिवपाच्य कार्यावळीत उलयताले. ह्यावेळार मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी बरे काम करपी वेगवेगळ्या क्षेत्रातल्या कामगारांचो भौमान जालो.

आयज 1 मे कामगार दिसा निमतान **all india trade union congress** च्या फुडारपणाखाला राज्यातल्या वेगेवगळ्या कामगारांच्या संघटनानी पणजे कदंबा बस स्टॅण्ड ते आझाद मैदानामेरेन रॅली काडली.कामगारांचेर जावपी अन्यायाचो प्रस्न सराकरान सुटावो करचो तशेंच कामगारांचो पगार आनी निवृत्ती वेतन वाडवचे अशी मागणी ह्यावेळार ह्या संघटनानी केल्या.कामगार सुध्दा मनीस , ताका लागुन ताका कामाचेर राब राब राबोवन घेवचे न्ही, ताका ताच्या कामाप्रमाण पगार दिवचो मात अशे जातना दिसना, हे फांटभुयेंर आयटकान राज्य सरकाराक कामगाराचे प्रस्न सुटावे करचे अशे 25 मागण्याचे खासा निवेदन भेटला अशी म्हायती आयटकचे फुडारी क्रिस्तोफर फोंन्सेका हांणी ह्यावेळार दिली

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण कमाल तापमान 35 डिग्री सेल्सियस तर किमान तापमान 28 डिग्री सेल्सियस नोंद जाला. वेधशाळे प्रमाण राज्यात मुखावेले 7 दिस तापमान 35 ते 36  डिग्री सेल्सियस आसू येता आणि वतावरण सुके आणि काय प्रमाणात ढगाळ आसतले. नुसतेमारपयांक खास शिटकावणी काय ना

मतदार वळेरेची अचूकता वाडोवपा खातीर आनी नागरिकांक मतदान प्रक्रिया चड सोयीची करपा खातीर भारतीय वेंचणूक आयोगान नवे उपक्रम सुरू केल्यात. हे उपाय भारताचे मुखेल वेंचणूक आयुक्त द्यनेश कुमार हांणी अंदू मार्चांत वेंचणूक आयुक्त डॉ सुखबीर सिंग संधू आनी डॉ.. विवेक जोशी हाच्या हाजिरेंत जाल्ले मुखेल वेंचणूक अधिकारी परिशदेंत सादर केल्ल्या उपक्रमां प्रमाण हे आसात.

मतदार म्हायती स्लिप (व्हीआयएस) मतदारांक अनुकूल करपा खातीर आयोगान आपली रचना बदलपाचो निर्णय घेतला. मतदाराचो अनुक्रमांक आणि भाग क्रमांक आता अधिक ठळकपणन प्रदर्शित करतले, फॉन्टाचो आकार वाडयला, जाका लागून मतदारांक आपलें मतदान केंद्र वळखुपाक सोंपें जातलें आनी मतदान अधिकाऱ्यांक मतदार वळेरेंत आपलीं नांवां कार्यक्षमतेन सोदून काडपाक सोंपें जातलें.

राजेश 170

गोयची नामनेची शिरगावची श्री लाइराई देवीची जात्रा  फालया सावन  सुरू जाता. ते निमतान भक्ताक येवकार दिवपाक शिरगाव सज्ज जाला., लांखानी भाविकांचे श्रद्धास्थान आशीली श्री लयिराई देवीची जात्रा  फल्या 2 मे सावन सुरू जातली ते उपरांत फुडले 5 दिस लाखानी भाविक देवीचे दर्शन घेतले. जात्रे दिसा फातोडे सावन व्हड संख्येन भाविक गावात येवपाक लागतात. दिसभर वेगवेगळे धार्मिक विधी जातात आणि मध्यान राती देवीचे व्रत घेतीले हजारांनी धोंड देवी मुखार पेटिल्या भगभगपी  होमखंडातल्यान वचत अग्नि दिव्य करतात. जात्रेच्या दुसऱ्या दिसा सावन चार दिस कौल जाता. जात्रे निमतान प्रशासनान पाच दिस शिरगावा खर पोलिस बंदोबस्त आणि हेर सुविधा दिवपाक  तशेच द्रोणा वरवी नदर दवरपाक बसकेत □रायला.

लोकांनी शिस्त पाळून देव दर्शन घेवचे, गाडयो कशाय कशो  पार्क करून   येरादारीक आडमेळ हाडची न्हय अशे देवस्थानाचे अध्यक्ष दिनाना□ गावकार हाणी आवाहन केला. उत्तर गोय पोलिस अधीक्षक अक्षत कौशल हाणी वेगवेगळ्या खात्यांच्या अधिकाऱ्यांची बसका घेवन हे विशी चर्चा केल्या. शिरगावचे जत्रेक मोगरेच्या कळ्यांचो वए वेवसाय लाखानो रुपयांची उलाढाल करता. जातरे निमतान फुडले 5 दिस शिरगावा मोगऱ्यांचो परमल घामघमटलो  इतले मजगती जात्रा प्लॅस्टिक मुक्त जावची देखून शिरगावच्या शाळेच्या भुरग्यानी 2000 कागदी पोतयो तयार केल्यात

प्रसाद 95

बोरीच्या ग्राम पंचायत सभाघरांत फोंडा तालुका नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार कार्यालयान गिरायक सुरक्षेची आनी जागृताय कार्यशाळा घडोवन हाडली. थळाव्या प्रशासनांतल्या मुखेल प्रतिनिधींक एकठांय हाडप आनी गिरायक सेवे विशीं मार्गदर्शन दिवप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आशिल्लो. सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी कार्यशाळेचें उक्तावण केलें. रेशान धान्य दुकानांनी गिरायकांक रांगेंतल्यान वाट पळोवची पडची ना आनी तांचें कड्डण घरा पावोवपा खातीर एक सेवा चालीक लावपाची सुचोवणी मंत्री शिरोडकार हाणी दिल्या. ह्या वेळार फोंडा गट उदरगत अधिकारी अश्विन देसाय, बोरी सरपंच जयेश नायक, फोंडा तालुका नागरी पुरवण विभागाचे सहाय्यक संचालक डॉ. गौरव नाईक हाजीर अशिल्ले. सुमार 75 प्रतिनिधींनी कार्यशाळेंत वांटो घेतलो.

काल चंदीगडात जाल्या दुसऱ्या भारतीय उक्त्या रिले सर्तीत अव्वल धावपटू गुरिंदरवीर सिंग, अनिमेश कुजूर, मणिकांत होबलीधर आणि अमलन बोरगोहेन हांच्या पंगडान दादल्यांच्या ४x१०० मीटर रिलेत राष्ट्रीय विक्रम मोडलो.

या चौघांनी ३८.६९ सेकंदांची वेळ नोदोवन या सर्तीत एक नवीन विक्रम प्रस्थापित केलो या आदियो ३८.८९ सेकंदांचो विक्रम दिल्लीच्या २०१० च्या राष्ट्रकुल सर्तीत नोंद जाल्लो

राज्यांतल्या सगल्या पंचायत वाठारांनी बाल ग्राम समिती स्थापन करपा विशींची मार्गदर्शक तत्वां पंचायत संचालनालयान जारी केल्यांत. पंचायत संचालनालयान तालुक्याच्या गट उदरगत अधिकाऱ्यांक ह्या वावरांत फुडाकार घेवपाचे निर्देश दिल्यात. गोंय बाल हक्क कायदो २००३ प्रमाण दरेका गांवांत अशीं गांव बाल समिती स्थापन करप सक्तीचें आसा. ही बाल गांव समिती भुरग्यांचे हक्क सांबाळपाक आनी भुरग्यांक पर्यावरण संरक्षणाची जाणविकाय करपाक वावुरतली. राज्यांतल्या सगल्या ग्रामपंचायतींनी ह्यो समित्यो घडोवपाची जापसालदारकी पंचायत संचालनालयान गट विकास अधिकाऱ्यांचेर सोंपयल्या आनी तीं सारकीं काम करतात काय ना तें पळोवचें अशें मागला. ज्या ग्राम पंचायतींनी अजून ह्यो समिती तयार करूंक नात, तांणी ह्या वर्सा सावन म्हळ्यार २०२५/२६ सावन आपापल्या ग्राम पंचायत वाठारांत ह्यो समित्यो कार्यरत करच्यो अशें पंचायत संचालनालयानय मागला.